# वेंचणूक आयोगान संवसारीक ज्येश्ठ नागरिक दीस मनयलो

ता. 3 ऑक्टोबर 2022

भारतीय वेंचणूक आयोगान 1 ऑक्टोबराक संवसारीक ज्येश्ठ नागरिक दीस मनयलो. आयोगान ह्या दिसा 80 वर्सां पिरायेवयल्या मतदारांचो सत्कार केलो.

गोंयांत बूथ पांवड्यावयल्या अधिकाऱ्यांनी स्वता 80 वर्सां पिरायेवयल्या मतदारांच्या घरांनी भेट दिवन तांकां आयोगाचे ज्येश्ठ मतदार पत्र भेटयले. तशेंच
वेंचणूक नोंदणी अधिकारी आनी सहाय्यक वेंचणूक नोंदणी अधिकार्यांनी पिरायेची शंभर वर्सां पुर्ण केल्ल्या गोंयांतल्या मतदारांच्या घरा भेट दिवन तांचो सत्कार केलो आनी आयोगाचे ज्येश्ठ मतदार पत्र भेटयले.

वेंचणूक आयोगान ज्येश्ठ मतदारांक भेटयिल्ल्या पत्रात ज्येश्ठ मतदारांच्या वेंचणूक प्रक्रियेतल्या योगदाना खातीर तांचे उपकार मानल्यात. ज्येश्ठ मतदारांनी लोकशाय़ प्रक्रियेत सहभागी जावन भारतीय लोकशाय मजबूत करपा वांगडाच तरणाट्यांमूखार एक आदर्श दवरला.

गोंयांत 80+ पिराय गटात सुमार 29000 मतदारांची नोंद आसा. ह्या गटात 330 मतदार 100+ पिराय गटातले आसात. सत्कार कार्यक्रमाक ज्येश्ठ मतदारां कडल्या बरो प्रतिसाद मेळ्ळो. वेंचणूक आयोगान 2022 च्या विधानसभा वेंचणूकेत 80+ पिराये वयल्या मतदारांक पोस्टल बॅलेट सुविधा उपलब्ध करून दिल्ले खातीर ज्येश्ठ मतदारांनी आयोगाच्या प्रयत्नांची तोखणाय केली आनी फुडारांत येवपी वेंचणूक प्रक्रियांनी उमेदीन वाटो घेवपाचे उतर दिले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/606

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji